# इतिहासीक राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपली

ता. 27 जानेवारी 2025

सत्तरीतल्या नाणूस किल्ल्याचेर आयोजीत कार्यक्रमात आमदार डॉ. देविया राणे हांणी राणे बंडाच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून राणे बंडाच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. देविया राणे हांणी गोंयच्या मुक्ती खातीर सुटके झुजाऱ्यांनी केल्ल्या त्यागाची जाणीव प्रत्येक नागरिकाक आनी खास करून युवा पिळगेक करून दिवपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगून नाणूस किल्ल्याची दुरूस्ती आनी सुशोभिकरणाचे काम रोखडेच सुरू करपात येतले, अशें सांगलें.

दिपाजी राणे आनी दादा राणे हांणी गोंय मुक्ती खातीर व्हड योगदान दिल्ले आसून तांच्या बंडाचो इतिहास सत्तरी आनी गोंयच्या लोकांक कळपाक जाय. लोकांनी नाणूस किल्ल्याक भेट दिवन राणे बंडाचो इतिहास जाणून घेवचो, अशेंय आमदार डॉ. देविया राणे हांणी सांगलें.

एड. शिवाजी देसाय हांणी राणे बंडाच्या इतिहासाचेर उलवप केले.

आदले आमदार नरहरी हळदणकर, गृह खात्याचे जोड सचीव तुषार हळर्णकर, अवर सचीव मंथन नाईक, भिरोंडा पंचायतीचे सरपंच उदयसिंग राणे आनी हेर नागरिकांनी स्मारकाचेर पुष्पांजली ओपली.

पुलीस पंगडान मानवंदना दिवन लास्ट पोस्टची धून वाजयली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/103

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.